## मुख्यमंत्र्याहस्तुकीं व्हिस्टिऑन टॅक सेंटर गोवाचें उक्तावण

ता. 3 जून 2022

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पणजे शारांत म्हायती तंत्रज्ञानमंत्री श्री. रोहन खंवटे हांच्या उपस्थितीत व्हिस्टिऑन टॅक सेंटर गोवाचें उक्तावण केले.

ह्या वेळार उलयताना मुख्यमंत्र्यान सरकारन गोंयांत आयटी क्षेत्र मजबूत करपाखातीर फुडल्या पाच वर्सांखातीर विविध धोरणांची आखणी केल्ल्याचे सांगलें. गोंयांतल्या विस्टिऑन टॅक सेंटरच्या उक्तावणाक लागून पुराय देशांत आनी आयटी मळार बरो संदेश वतलो की आमचें सरकार गोंयांत विंगड विंगड आयटी उद्देगांक येवकार दिता.

गोंयांक आयटी आनी तंत्रज्ञान हब करपा खातीर आमी खाजगी उद्देगांक तशेंच तंत्रज्ञान कुशळटायेक आकर्शीत करतात. तशेंच गोंयांक शिक्षणीक हब करपा खातीर शिक्षणीक संस्थां आनी संशोधन क्षेत्राक प्रोत्साहन दितात, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

मुख्यमंत्र्यान फुडें म्हणलें, आमी प्रधानमंत्र्यांच्या आत्मनिर्भर भारत उपक्रमाची प्रेरणा घेवन गोंयांक आत्मनिर्भर करपा खातीर स्वयंपूर्ण गोंय उपक्रम सुरू केला. व्हिस्टिऑन सारख्यांच्या भागीदारीतल्यान आयटी मळार गोंय स्वयंपूर्ण जावपाक मदत जातली, अशें सांगून मुख्यमंत्र्यान गोंयांत सेंटर सूरू केल्लेखातीर व्हिस्टिऑनचें अभिनंदन केलें.

आयटी मंत्री श्री. रोहन खंवटे हांणी राज्यांत आयटी क्षेत्राक प्रोत्साहन दिवपाखातीर सरकारान सूरू केल्ल्या येवजणांची म्हायती दिली.

व्हिस्टिऑन टॅक सेंटर गोंयचें अध्यक्ष आनी सीईओ श्री. सचीन लवंदे, श्री रॉबर्ट व्हॅलेन्स आनी हेर मानेस्त ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/401

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji